# शेती वेवसायातल्यान आत्मनिर्भर जावप शक्य आसा- कृशीमंत्री रवी नाईक

ता. 4 ऑक्टोबर 2023

कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक हांणी गोंयची वळख आनी सैमीक सोबीतकाय सांबाळून दवरपा खातीर युवकांनी शेती वेवसायात आपले करीअर करपाचो उलो मारलो. श्री. नाईक आयज दोनापावला हांगा राजभवनाच्या नवीन दरबार हॉलात कृशी संचालनालयान आयोजीत 'भरड धान्य उत्सव' चे उक्तावण केले उपरांत उलयताले.

फुडें उलयताना कृशीमंत्र्यान सांगलें, गोंयच्या शेतकारांनी आता आपल्या शेतांनी देवन लागवड करपाची वेळ आयिल्ली आसा. शेतकारांनी आपली शेत जमीन पडीक दवरली जाल्यार तीचेर रिअल इस्टेटवाल्यांची नदर पडटली आनी अशा शेत जमीनीचे कांय वर्सांनी काँक्रीटाच्या जंगलात रूपांतर जाल्ले पळोवक मेळटले. त्या खातीर शेतकारांनी आपल्या शेतांनी लागवड करून स्वता आत्मनिर्भर जावपा वांगडाच गोंय राज्याक शेती उत्पादनांबाबतीत स्वयंपूर्ण करपा खातीर आपले योगदान दिवचे, अशें सांगलें.

गोंय राज्यांत अनेक काळासावन भरड धान्य पिकांची लागवड जाताली, जातूंत नाचणी, वरी अशा पिकांचो आस्पाव आशिल्लो. भरड धान्यां ही पुश्टीक आसून निरोगी जीणेखातीर म्हत्त्वाची आसा. पुण आयज अशां पिकांकडेन आडनदर जाल्ली आसा. पुण आता भरड धान्याक परत म्हत्त्व आयिल्लें आसा, अशें तांणी सांगलें.

भरड धान्य पिक लागवडीच्या शेतीक प्रोत्साहन दिवपा खातीर कृशी संचालनालयान पावलां उबारिल्ली आसून शेतकारांनी सरकारी येवजणांचो लाव घेवन आपली जमीन लागवडीखाला हाडपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंय राज्याखातीरचे नीती आयोगाचे वरिश्ठ सल्लागार आनी नोडल अधिकारी डॉ. अण्णा रॉय हांणी ग्रामीण वाठारांतल्या महिलांमदी उद्देजकताय कुशळटाय वाडोवपाची गरज उक्तायली. भरड धान्य लागवड आनी उत्पादनातल्यान येणाऱ्या काळांत बायलांक वेवसायाची संद मेळपाक शकता. भरड धान्य उत्पादनांची गुणवत्ता, प्रक्रिया, पॅकिंग आनी डिजिटल मार्केटिंग क्षेत्रात महिला म्हत्वाचे काम करपाक शकता, अशें तांणी सांगलें.

कृशी संचालक श्री. नेव्हिल अल्फोन्सो हांणी भरड धान्य लागवडीक प्रोत्साहन दिवपाखातीर सुरू केल्ल्या येवजणांची म्हायती दिली. सध्या राज्यांत 20 हेक्टर जमीन भरड धान्य लागवडीखाला आसा आनी ती 50 हेक्टर मेरेन वाडोवपाखातीर प्रयत्न आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें.

सहाय्यक कृशी अधिकारी श्री दीपक गडेकर हांणी भरड धान्याचे म्हत्त्व आनी लागवड वाडोवपाखातीर सरकारान सुरू केल्ल्या प्रयत्नांची म्हायती दिंली.

ह्या वेळार भरड धान्य उत्पादन आनी जीन्नस तयार करपाच्या सर्तीचे आयोजन केल्लें. सर्तीच्या जैतवंतांक मानेस्तांच्या हस्तुकीं इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/775

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.